**प्रादेशीक खबरो, 12 जानेवारी 2025, सांजेची 7.20 वरां.**

**मुखेल खबरो.**

राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी आयज कांपालाचेर सुरू आशिल्ल्या आठव्या ॲक्वा गोवा नुस्तें महोत्सवाक भेट दिली.

भारत देश आणि भारताची संस्कृताय सखोलपणान जाणून घेवची आसल्यार देशांतल्या तरणाट्यांनीं स्वामी विवेकानंद अभ्यासचो असो उलो मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी मारला.

राज्य पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्यान राज्यातली आनीक धा तळी 'ओलसाणींचो वाठार ' म्हुण अधिसूचीत केल्यांत.

कोंकणी भाशा मंडळा वतीन फाल्यां 13 जानेवारीक सांजेच्या 4.30 वरांचेर मडगांवच्या रविंद्र भवनांत जेश्ठ साहित्यीक अड़ उदय भेंब्रे हांच्या यादींचो कुरपणो ह्या पुस्तकाचें प्रकाशन जातलें.

गोंयचे आदले मंत्री अशोक नायक साळगांवकार आयज संवसाराक अंतरले.

**सदानंद शेट तानावडे 65**

राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी आयज कांपालाचेर सुरू आशिल्ल्या आठव्या ॲक्वा गोवा नुस्तें महोत्सवाक भेट दिली.

ह्या वेळार तांचे वांगडा नुस्तेमारी मंत्री निळकंठ हळर्णकार, पर्यावरण मंत्री आलेक्स सिक्वेरा, नुस्तेमारी खात्याच्यो संचालक आय.ए.एस, यशस्विनी बी, आर्यन खेडेकार आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

नुस्तेमारी खात्यावतीन पयर  कांपाल मैदानाचेर ह्या तीन दिसांच्या नुस्तें महोत्सवाचे मुखेलमंत्र्यां हस्तुकीं उक्तावण जाल्लें. हे तीन दीस हजारांनी लोकांनी ह्या महोत्सवाक भेट दिली.

**स्वामी विवेकानंद  115  sushant**

भारत देश आणि भारताची संस्कृताय सखोलपणान जाणून घेवची आसल्यार देशांतल्या तरणाट्यांनीं स्वामी विवेकानंद अभ्यासचो असो उलो मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हाणी मारला.

आयज राष्ट्रीय युवा दिसाच्या निमतान मडगावच्या स्वामी विवेकानंद केंद्रान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत  ते उलयताले.

मडगांव रवींद्र भवनात हें स्वामी विवेकानंद केंद्र सुरू केलां. थयच आयज ही कार्यावळ आयोजीत केल्ली.  विवेकानंद हांचे विचार सगळे कडेन प्रसारित करपा खातीर आनी तें वरवीं युवा वर्गांत चैतन्य निर्माण करपा खातीर गोयांत विवेकानंद विचार प्रसार महामंडळ स्थापन करपाचो प्रस्ताव गोंय सरकारा मुखार दवरला आनी हो प्रस्ताव मान्य जालो जाल्यार राज्यांतल्या युवा शक्तीक ताचो खूब मोठो फायदो जातलो अशें ताणी सांगले. ह्या वेळार रवींद्र भवनाचे उपाध्यक्ष मनोहर बोरकार आनी हेर पदाधिकारी उपस्थीत आशिल्ले. सुरवेक स्वामी विवेकानंदांच्या फोट्याक फुलांचीं  आर्गां ओंपलीं.

**'ओलसाणींचो वाठार  Subhash Jaan  120**

राज्य पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्यान राज्यातली आनीक धा तळी 'ओलसाणींचो  वाठार ' म्हुण  अधिसूचीत  केल्यात. ओलसाणीच्या  वाठार संरक्षण आनी वेवस्थापन नेम, २०१७ खाला ही अधिसूचोवणी जारी जाल्या. हे आदीं राज्यांतली १५ तळीं ओलसाण वाठार म्हूण अधिसुचीत जाल्यात. आतां गोंयांतल्या ओलसाणीच्या वाठारांचो वट्ट आंकडो २५ मेरेन वाडला. बार्देशातलें पर्रा तळें, खांडेपारचे पाचमी तळें, फोंडे केरीचे आर्लो तळें आनी बेताळ

तळें, साखळी कारापूर हांगाचें कोडल तळें, अश्या तळ्याचो नव्या अधिसूचोवणेंत आस्पाव केलां. उदका स्त्रोत आनी पर्यावरण राखण तशेंच जैवविविधतेच्या साबांळा खातीर ओलसाणीचे वाठार महत्वाचे थारतात.

केंद्राच्या नेमा प्रमाण, एकदां ओली जमीन म्हूण अधिसुचोवणी दिल्या उपरांत, उदका भोंवतणी तशेंच ताच्या प्रभाव क्षेत्रा भितर उदरगतीच्या कार्यावळींचें नियंत्रण उरता. इतिहासीक नदरेन गोंयांतली चडशीं ओलसाणीचीं तळीं पावसा उपरांतच्या म्हयन्यांत शिंपणावळीचो स्त्रोत म्हूण पावसांतलें उदक सांठोवपाखातीर वापरतात.

**म्हापशें बोडगेश्वर 140**

म्हापशेचो जागृत राखणदार श्री देव बोडगेश्वर देवस्थानाच्या णव्वदाव्या जात्रेची सुरवात आयतारा हजारांनी भक्तांच्या उपस्थितीन उमेदीन जाली. ही जात्रा सप्तकभर आयतार 19 जानेवारी मेरेन चालू उरतली.

दनपारां 12 वरांचेर देवाच्या पायांकडेन श्रीफळ दवरून आनी पुरोहितान गाऱ्हाणें घातल्या उपरांत जात्रेक सुरवात जाली.

जात्रेच्या पुजेची येजमानकी देवस्थान समितीचे अध्यक्ष आनंद भाईडकार आनी तांचे घरकान्नीन केली

ह्या निमतान म्हापशें वाठारांतल्या वेगवेगळ्या देवस्थानांनी, वेगवेगळ्या संघटनांनी, पुलीस, उजो पालोवपी दळ आनी नगरपालिकांनी देवाच्या पांयांकडेन फळांचो प्रसाद अर्पण केलो.

शिवोलीच्यो आमदार दिलायला लोबो, नगराध्यक्ष डॉ. नूतन बिचोलकार, उपनगराध्यक्ष सुशांत हरमलकार, उप-पुलीस अधीक्षक संदेश चोडणकार, निरिक्षक निखिल पालेकार, सूरज गांवस, विजय राणे, मार्लेन डीसोझा, तशेंच वेगवेगळे सरकारी अधिकारी आनी भौशीक फुडाऱ्यांनी बोडगेश्वर देवाचें दर्शन घेतलें.

काल वर्धापन दिसा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, कैंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तनावाडे, आदले कैंद्रीय मंत्री अड. रमाकांत खालाप, आदलो आमदार दामू नायक, आनी दयानंद सोपटे हांणींय देवाचें दर्शन घेतलें.

**मडगाव कोमुनीदाद समितीचे सावीयो कुर्रय अध्यक्ष 65**

मडगाव कोमुनीदाद संस्थेची २०२५ ते २०२८ या काळा खातीरची नवी समिती आज बिनविरोध वेचून काडली. या वेळार अध्यक्ष म्हणून सावीयो कुर्रय हांका वेचून काडले. वेचणुक अधिकारी म्हणून रोहन नाईक हे हाजिर आसले

हेर समिती अशी: भांडारी जिजस गोम्स, एटर्नी सेलेस्टिनो नोरोन्हा, जाल्यार उप समितीचे अध्यक्ष म्हणून गिनो कुलासो, एटर्नी म्हणून फ्रांझ शुबर्ट कोता जाल्यार भांडारी म्हणून जुआव झेवियर मिरांडा हांका बिनविरोध वेचून काडले.

**कोंकणी भाशा मंडळ 80**

कोंकणी भाशा मंडळा वतीन फाल्यां 13 जानेवारीक सांजेच्या 4.30 वरांचेर मडगांवच्या रविंद्र भवनांत यादींचो कुरपणो ह्या अड़ उदय भेंब्रे हांच्या कोंकणी भाशीक चळवळींतल्या उगडासांचेर आधारीत पुस्तकाचें प्रकाशन जातलें.

ह्या वेळार अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचे अध्यक्ष फादर मावजीन्य द आताईद तशेंच लेखक आनी समिक्षक प्राद्‌यापक डॉ भुषण भावे, पुस्तकाचेर उलोवपी लेखक आनी शिक्षक अनंत अग्नी आनी हेर मानेस्त हाजीर आसतले.

हे कार्यावळीक मुजरत हाजीर रावचें असो उलो  कोंकणी भाशा मंडळाची अध्यक्ष रत्नमाला दिवकार आनी सचिव मंगलदास भट हांणी मारला.

**दले मंत्री अशोक नायक साळगावकार संवसाराक अंतरले 70**

गोंयचे आदले मंत्री अशोक नायक साळगावकार हे आयज संवसाराक अंतरले. तांची पिराय 82 वर्सां आसली. म्हापशे मसणभूंयत तांचे कुडीचेर निमणे संस्कार जालें.

अशोक नाईक साळगावकार हे 1984 वर्सा शिवोली मतदारसंघातल्यान मगोच्या उमेदवारीचेर वेचून आयले. हाचे उपरांत 1989 वर्सा मगोच्या उमेदवारीचेर ते दुसरे खेपो वेचून आयले. कालांतरान तांणी काँग्रेस पक्षात प्रवेश केलो. रवी नायक आनी डॉ. विल्फ्रेड डिसोझा हांच्या सरकारात ते मंत्री आशिल्ले. तांचे निधना खातीर राजकी तशेच सामाजीक वाठारातल्या मानेस्तानी दुख उक्तायला.

**फेरतपासणीः दरेका प्रस्नाक □ तां 100 रुपया ! - 240**

धावी आनी बारावेचे परिक्षेक बसपी विद्यार्थ्यांक निकाला उपरांत पेपराची परतून तपासणी करपाची आसल्यार आतां दरेका प्रस्ना खातीर 100 रुपया मेजचे पडटले. हे आदीं पुराय पेपर परतून तपासपा खातीर 700 रुपया घेताले. पूण आतां फेरतपासणी खातीर 100 रुपयांचें शुल्क घेतले, अशी म्हायती गोवा बोर्डाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हांणी पत्रकारां कडेन उलयतना दिली.

अंदूं बारावेची परिक्षा 10 ते 28 फेब्रुवारी हया काळांत जातली. जाल्यार धावेची परिक्षा1 ते 20 मार्च हया काळांत जातली. परिक्षेचो निकाल लागले उपरांत खूबशे विद्यार्थी आपल्याक मेळिल्ल्या गुणांचेर समाधानी आसनात. तांचे कडल्यान पेपराचे फेरतपासणेची मागणी करतात. हे आदीं अशे तरेची मागणी आयली जाल्यार संबंदीत विद्यार्थ्या कडल्यान पुराय पेपरा खातीर 700 रुपयांचें शुल्क घेताले. पूण हे खेपे मात दरेका प्रस्ना खातीर 100 रुपयांचें शुल्क घेवपाचो निर्णय गोवा बोर्डान गेतला, अशें शेट्ये हांणी सांगलें.

मजगतीं, धावी आनी बारावेची परिक्षा दिवपी खूबशे विद्यार्थी स्वताक मेळिल्ल्या गुणांचेर दुबाव उक्तावन पेपराचे फेरतपासणेची मागणी बोर्डा कडेन करतात. ते आदीं संबंदीत विद्यार्थ्यांक पुराय पेपराचे तपासणे खातीरचें शुल्क बोर्डाक दिवचे पडटाले. पूण हे खेपे मात दुबाव आशिल्ल्या प्रस्नांच्या गुणांचीच तपासणी करून

वेळ वाटावपाचे नदरेन बोर्डान नेमांत बदल केला, अशी म्हायती गोवा बोर्डांतल्या सुत्रांनी दिली.

पेपर फेरतपासणेची मागणी करतना विद्यार्थ्यांक पयलीं फोटोकॉपीची मागणी करची पडटली. ते प्रमाण चार ते पांच दिसांनी फोटोकॉपी दितले. ते उपरांत विद्यार्थ्यांक ज्या प्रस्नाच्या गुणा विशीं दुबाव आसा, ताची म्हायती दिवची पडटली. ते खातीर विद्यार्थी आपल्या शिक्षकांची लेगीत मजत घेवपाक शकता. ते प्रमाण दरेका प्रस्ना खातीर 100 रुपयांचें शुल्क घेवन विद्यार्थ्यांनी सादर केल्ल्या प्रस्नांचीच फेरतपासणी करतले, अशे भगीरथ शेट्ये हांणी सांगलें.

**ही □ सा एक चत्राय 65**

प्रसार भारती खबरा विभागा वतीन आकाशवाणी पणजी केंद्राचेर पूराय वेळ कंत्राटी पद्धतीचेर काम करपाक कार्यकारी संपादक म्हूण एक तशेंच अनुवादक-खबरावाचक म्हूण एक अशा दोन सुवातीं खातीर दोन वर्सा खाती खातीर काम करपाक अर्ज मागयल्यात.

ही सेवा शुध्द कंत्राटी तत्वाचेर आसतली आणि म्हयन्याक विना अट ४० ते ५० हजार एकठांय पगार आसतलो.

हेर म्हायती अटी आनी तपशिला खतीर प्रसार भारतीच्या संकेतथळावेल्या रिक्त पदांचो घोशणा विभाग पळोवचो.